**जात्रां, फेस्तांनी अन्न वेवसाय करप्यांक कळोवणी**

ता. 20 नोव्हेंबर 2023

राज्यांत जात्रां आनी फेस्तांचो मोसम सुरू जावपाचो आशिल्ल्याच्या फांटभूंयेर अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान अन्न वेवसाय/विक्री करप्यांनी अन्न सुरक्षा कायद्याच्या नेमांक पाळो दिवपाचो सल्लो दिला. अन्न वेवसाय सुरू करचे पयली वेवसायिकांनी अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालया कडल्यान FSSAI नोंदणी प्रमाणपत्र घेवपाची गरज आसा. स्टॉलांनी नितळसाण राखप, कामगारांनी नतळ एप्रॉन आनी तकलेक कपडो बांदप, अन्न रांदपाची आयदनां नितळ दवरप, शिजयिल्ले अन्न धापून दवरपाक जाय. फकत मान्यताय आशिल्ले रंग आनी प्रमाणात वापरचे.

गोंय राज्य बाल हक्क संरक्षण आयोगान जात्रां आनी फेस्तांनी उगड्यार तयार करून विकपात येवपी गोबी मंच्युरियन, स्वीट कॉर्न अशां अन्न पदार्थांच्या सुरक्षेविशी हुस्को उक्तायला. ते खातीर अन्न हाताळप्यांनी भलायकी सेवा संचालनालय वा नोंदणीकृत दोतोराकडल्यान सॅनिटरी कार्ड घेवपाक जाय. गुठळावपाक वा पॅक करपाक न्युजपेपराचो आनी स्टॅपलर पिनीचो वापर करचो न्हय.

वयल्या मार्गदर्शक तत्वांक/नेमांक पाळो न दिवप्यांआड अन्न सुरक्षा आनी मानांकन कायदो 2006 खाला कारवाय जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/891

--
------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.